**राज्यपाल, मुख्यमंत्र्याकडल्यान हुतात्म्यांक आर्गां**

ता. 18 जून 2020

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर जाल्ल्या गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून गोंय मुक्ती चळवळीतले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक गोंयच्या जनतेवतीन आर्गां ओपली.

मुख्य सचिव श्री. परिमल राय, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका, राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकूर, महसूल आनी म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. संजय कुमार, पुलीस महानिरीक्षक श्री. जसपाल सिंग, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो संचालीका श्रीमती मेघना शेटगांवकर, पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

18 जून 1946 वर्सा स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी आताच्या मडगांवच्या लोहिया मैदानावयल्यान गोंयकारांक पोर्तुगीजांच्या सत्तेतल्यान गोंयाक मुक्त करपा खातीर एकजूटीन लडपाचो कळकळीचो उलो मारिल्लो, त्या दिसाच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा 18 जूनाक गोंय क्रांती दीस मनयतात. तांणी मारिल्ल्या उल्यान अनेक गोंयकारांक राज्याच्या मुक्ती खातीर लडपाची प्रेरणा मेळ्ळी आनी शेवटी 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगीजांच्या परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जाले. तशेंच ह्या दिसा गोंय मुक्ती खातीर ज्ञात-अज्ञात स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास करतात.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/314

.

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA